
# चित्र काणी
# बेंजामिन फ्रँक्लिन



डेविड ए एडलर
चित्र: जॉन एलॅग्जॅण्डर, कोंकणी अणकार: श्वेता पालकार

# चित्र काणी
# बेंजामिन फ्रँक्लिन



डेविड ए एडलर
चित्र: जॉन एलॅग्जॅण्डर, कोंकणी अणकार: श्वेता पालकार
ट्रम्पेट क्लबाची खाशेली आवत्ती



जोहाना हट्र्सविट्झ
डी. ए. ए.
वाचन आनी कल्पनाशक्ती खातीर
जे. डब्लू आनी ए. डब्लू हांकां

बेंजामिन फ्रँक्लिनाचो जल्म 17 जानेवारी 1706 ह्या दिसा बॉस्टन, मेसाच्युसेट्स हांगसर जालो. त्या काळार 13 अमेरिकी वसाहती, इंग्लंडच्या सत्ते खाला आशिल्ल्यो आनी मेसाच्युसेट्स ही तातूंतलीच एक.


फ्रँक्लिनाक सगळीं मेळून एकूण 17 भांवडां. बेंजामिन धावो. बेंजामिन व्हड जातकच ताणें पाद्री जावचो अशी ताच्या बापायली इत्सा आशिल्ली.








बेंजामिनाक सदांच नव्यो-नव्यो कल्पना सुचताल्यो. ल्हान आसतना ताणें हाताक घालून पेंवपाचें व्हलें तयार केलें. तें व्हलें ताका आनीक वेगान पेंवपाक मजत करतालें.





आठ वर्सांचो आसतना बेंजामिन शाळेंत वचपाक लागिल्लो. ताचें हातबरप सुंदर आसलें आनी तो वाचनूय बरें करतालो. मात गणितांत मातसो फाटीं आसलो.


ताका शाळेंत धाडपा इतले बेंजामिनाच्या बापाय कडेन दुडू नासले. धा वर्सांचो आसतना बेंजामिन आपल्या बापायल्या साबण आनी मेणवातींच्या पसऱ्यार काम करूंक लागलो. बेंजामिन वाती कातरतालो आनी गरम मेण मेणवातींच्या सांच्यांत घालतालो. थंयची हेरूय बारीक-सारीक कामां तो करतालो. ताका मेणाचो आनी खतखतत्या साबणाचो वास मातूय आवडनासलो. ताका मेणवातीय करपाक आवडनासले.




बेंजामिन कविता बरयतालो. ताका पुस्तकां आनी वाचनाची गोडी आसली. देखून 12 वर्सांचो आसतना बापायन ताका एके छापणावळींत कामाक लायलो. छापपी आनी ते छापणावळीचो मालक आशिल्लो जेम्स फ्रेंक्लिन – बेंजामिनालो व्हडलो भाव.

जेम्स फ्रँक्लिनान अमेरिकेचें पयलें वर्तमानपत्र, *द न्यू इंग्लंड कोउरांत* छापूंक सुरवात केली. बेंजामिन वर्तमानपत्रा खातीर टंकलेखन करतालो आनी छापणावळ चलयतालो. तो वर्तमानपत्रा खातीर बरे लेखूय बरयतालो. लेख कोणें बरयला हें कोणाक कळचें न्हय म्हूण तो आपले लेख *मिस्ट्रेस सायलेंस डोगुड* ह्या टोपण नांवान छापतालो. जेन्ना जेम्साक *सायलेंस डोगुड* कोण ते कळ्ळें तेन्ना ताका खूब राग आयलो. ताणें ताचे लेख छापपाचेच बंद केलें.









बेंजामिन सतरा वर्सांचो जातकच ताणें आपल्या भावालो छापखानो सोडलो. उपरांत तो न्यू यॉर्क सिटींत गेलो आनी मागीर फिलेडॅल्फिया, जंय तो छापणावळींत कामाक लागलो. फिलेडॅल्फिया येवन कांय दिसांनीच ताची वळख डेबोराह रीडा कडेन जाली. 1730 वर्सा तीं लग्न जालीं. बेंजामिनाक तीन भुरगीं आसलीं – विलियम, फ्रांसिस आनी साराह.



1728त बेंजामिन बावीस वर्सांचो जालो. तेन्ना ताणें स्वताचो छापखानो सुरू केलो आनी *पेनसिलवेनिया गजेट* नांवाचें दिसाळें सुरू केलें. बेंजामिनान खूब काम केलें. तो पेनसिलवेनियाचो कार्यकारी छापपी जालो. उपरांत न्यू-जर्सी, डेलावेर आनी मेरीलॅण्डचोय कार्यकारी छापपी म्हूण ताची नेमणूक जाली.

1732च्या उपरांत, दर वर्सा बेंजामिनान *पुअर रिचड्‌र्स आल्मानेक* (पंचांग) छापूंक सुरवात केली. त्या काळार तें अमेरिकेंतलें फामाद पंचांग आसलें. तातूंत हवामानाची माहिती, जेवणा-खाणाच्यो पद्धती आनी म्हत्वाच्यो कांय तारखोय आसताल्यो. पंचांगान तो काणयो आनी सुविचारूय छापतालो. देखीक, “बेगीन न्हीदप, बेगीन उठप, मनशाक करता आरोग्य, पयसो आनी बुद्धीन संपन्न” आनी “जितली गडबड चड, तितलो इबाड व्हड.”






Printing Shop.

ल्हानपणा सावनच बेंजामिन फ्रँक्लिनान खूब कश्ट काडिल्ले, खूब कामां केल्लीं. 1748 म्हणल्यार, बावेचाळीस वर्सांचो जातासर, तो खूब गिरेस्त जालो. छापणावळीच्या धंद्यांतल्यान तो निवृत जालो. उपरांत ताणें आपली जीण सार्वजनीक कामां करपांत, नवे सोद लावपांत आनी हेर कांय प्रयोग करपांत सारली.

बेंजामिन फ्रँक्लिनान फिलेडॅल्फियांत पयले अग्निशमक दळ आनी पुलीस स्टेशन सुरू करपाक हातभार लायलो. अमेरिकेंत ताणें पयली कर्ज दिवपी लायब्ररी आनी पयलें हॉस्पिटल सुरू केलें. तो फिलेडॅल्फियाचो पयलो पोस्ट-मास्टर जालो आनी उपरांत हेर तेराय अमेरिकन वसाहतींचोय पोस्टमास्टर तो जालो.





Benjamin Franklin



ताणें "फ्रेंक्लिन स्टोवाचो" सोद लायलो. जातूंत कमी इंधनाचो वापर करून रूम चड गरम जातालो. ताणें पयस आनी लागींचें पळोवपाक "बायफोकल लेन्साचोय" सोद लायलो.


ताणें एक "लांब हातूय" केलो जाच्या आदारान वयर दवरिल्लीं पुस्तकां सहजपणान सकयल काडूं येतालीं. इतलेंच न्हय तर ताणें "लायटनिंग-रॉडूय" तयार केलो जाका लागून घरांक उज्या पासून जावपी धोको कमी जालो.





बेंजामिन फ्रँक्लिनाक विजेचें खूब कुतूहल आसलें. एकदा ताणें एक घातकी प्रयोग केलो. ताणें गडगड आनी वादळ चालू आसतना पतंग मळबांत उडयलो. जेन्ना जोगलां पतंगाक आडखळीं तेन्ना पतंगाच्या दोरयेक आशिल्ल्या चाववेंतल्यान उज्याच्यो किटी उसळयो. हातूंतल्यान ताणें जगाक दाखोवन दिले जोगलां म्हणल्यारच वीज, विद्युतशक्ती.






1765 वर्सा बेंजामिन इंग्लंडाक गेलो. थंय हावज ऑफ कॉमन्सांत तो स्टॅम्प ऍक्टाच्या विरोधांत उलयलो, कारण हे टॅक्स अमेरिकन वसाहतीक अयोग्य दिसताले. निमाणे कडेन बेंजामिनान इंग्लीश लोकांक आपलो मुद्दो पटोवन दिलो आनी तांणी हे टॅक्स बंद केले.

बेंजामिन फ्रँक्लिन, इंग्लंडांत 10 वर्सां रावलो. ताणें इंग्लंडाच्या राजाक आनी ताच्या सल्लागार मंडळाक, तांच्या तेराय वसाहतीच्या लोकांक चड अधिकार आनी स्वातंत्र्य दिवंक सांगलें. पूण राजान तें मान्य केलें ना.


1775 वर्सा, अमेरिकन क्रांती सुरू जातनाच, बेंजामिन फ्रँक्लिन अमेरिकेक परत आयलो. आनी तो सॅकण्ड कॉण्टिनॅण्टल काँग्रेसीचो वांगडी आसलो आनी स्वातंत्र्याची घोशणा बरोवपा खातीर ताची निवड केल्ली.





1776 वर्सा बेंजामिन फ्रँक्लिन फ्रांसाक गेलो, थंयच्या लोकां कडेन अमेरिकी लोकांक स्वातंत्र्य मेळोवपाक मदत करात म्हूण सांगपाक. फ्रेंच लोकांक बेंजामिनाल्यो चतूर काणयो भोव आवडटाल्यो. तांणी ताचो एक म्हान विज्ञानीक म्हूण सत्कार केलो. फ्रांसाचो राजा लुइस XVI हाणें अमेरिकेक धन आनी हेर शस्त्रां धाडपाचें मान्य केलें.






अमेरिका स्वतंत्र जाली आनी बेंजामिन फ्रँक्लिनान तांचो इंग्लंड वांगडा *"शांती-करार"* बरोवपाक मदत केली.


बेंजामिन 1785 वर्सा फिलेडॅल्फिया परतलो. आतां तो अमरिकेचो हिरो जाल्लो. जेन्ना ताची बोट धक्यार पावली तेन्ना ताका मान म्हूण तोफेचो फार केलो, घांटी वाजयल्यो आनी ताका परबीं दिवपाक लोकूय खूब जमिल्ले.





दोन वर्सांनी, 1787 वर्सा, अमेरिकन शासना खातीर एक नवें संविधान बरोवपाचें आसलें. तें बरोवपांत बेंजामिन फ्रँक्लिनाचोय हातभार आसलो. पुराय पंगडांत तोच सगळ्यांत वरिश्ट आसलो. तेन्ना तो सुमार 81 वर्सांचो आसलो.

आपल्या निमण्या वर्सांनी बेंजामिनान आपलें आत्मचरित्र बरयलें. ताणें गुलामी प्रथेच्या विरोधांत बरयलें आनी ताचेर बंदी घालपा पासत खूब संघर्शूय केलो.



17 एप्रील, 1790 ह्या दिसा वयाच्या 84व्या वर्सा बेंजामिन फ्रँक्लिनाक मरण आयलें.

आपलें मृत्यू पत्र बरयतना ताणें आपलें नांव *“बेंजामिन फ्रँक्लिन, प्रिंटर”* अशें बरयलें. पूण पुराय संवसार जाणा आशिल्लो, तो एक मुद्रकच न्हय तर ताचे परस चड आनी व्हड आसलो. लोक ताका लेखक, विज्ञानीक, शोधक, राजकारणी म्हूण वळखताले. ते बेंजामिन फ्रँक्लिनाक एक म्हान अमेरिकन नागरीक म्हूण मानताले.





# म्हत्वाच्यो तारखो

| | |
|---|---|
| 1706 | 17 जानेवारी दिसा बॉस्टन, अमेरिकेंत जल्म. |
| 1718-1719 | भावाल्या छापणावळींत काम. |
| 1730 | फिलेडॅल्फियांत स्वताची छापणावळ सुरू केली. |
| 1730-1732 | डेबोराह रीड कडेन लग्न. |
| 1730-1732 | *पुअर रिचड्र्स आल्मनाकचें* (पंचांग) प्रकाशन. |
| 1765-1775 | इंग्लंडांत अमेरिकी वसाहतींचें प्रतिनिधित्व. |
| 1782 | इंग्लंडा वांगडा *"शांती-करार"* बरोवपाक योगदान. |
| 1787 | अमेरिकी संविधान लेखन समितीचे वांगडी. |
| 1790 | 17 एप्रीलाक फिलेडॅल्फियांत मरण. |